Panaji Regional 9th June 2025 7.25am

प्रमोद सावंत - 135

बांबोळेचे गोंय वैजकी म्हाविद्यालय इस्पितळात भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी भेट दिवन मुखेल वैजकी अधिकारी डॉ. रुद्रेश कुट्टीकार हांकां सेवेंतल्यान निलंबीत करपाचे आदेश जारी केल्ले. भलायकी मंत्र्याच्या ह्या निर्णयाचेर टीका जाले उपरांत मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी काल एक ट्विट जारी करून डॉ. रुद्रेश कुट्टीकार हांकां निलंबीत करचे नात, अशे स्पष्ट केले. राज्य सरकार आनी वैजकी अधिकारी गोंयचे जनतेक दर्जेदार सेवा दिवपाक कटिबद्ध आसा. हे प्रकरणी भलायकी मंत्री विश्वजित राणे हांचे कडेन हांवे चर्चा केल्या, अशे मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी सांगले.

बांबोळेचे गोंय वैजकी महाविद्यालयात भलायकी मंत्री राणे हांणी शेनवारा ७ जुनाक भेट दिवन कामाची पळोवणी केली. ह्या वेळार तांणी डॉ. कुट्टीकार हांचेर कामांत हलगर्जीपणां केल्ल्याचो आरोप करीत सेवेंतल्यान निलंबीत करपाचे आदेश जारी केल्ले.

डॉ. कुट्टीकार गोमॅकोंत उपचारा खातीर दाखल जाल्ल्या एका दुयेंती कडेन वायट वागिल्ल्याची कागाळ भलायकी मंत्र्याकडेन आयली. हाचे उपरांत भलायकीमंत्र्यानी ही कारवाय केली.

**शेतकी संशोधन - 90**

पोन्ने गोंयच्या भारतीय शेतकी संशोधन केंद्राचे संशोधन अधिकारी राज्यांतल्या साबार गांवांक भेटी दिंवन माती परीक्षण करतले. १२ जून मेरेनच्या ह्या मोहिमेत उसकई , बस्तोडा, मार्ना शिवोली , अंजुणे , कांदोळी , चोडण , आगशी , करमळी , गोवा वेल्हा अश्या उत्तर आनी दक्षिण गोंयातल्या कांय गांवांचो आसपाव आसा. पीक वाडोवपाचे आसत जाल्यार जमीनीतली पोशक तत्वां खबर आसूंक जाय आनी म्हणून माती परीक्षण गरजेचें आसा अशे भारतीय शेतकी संशोधन केंद्राचे संशोधन अधिकाऱ्यांनी सांगलां. माती परीक्षणांवरवी , जमीनीत खयंचे पिक घेवंचे ? कसलें सारें वापरचे वा तत्सम माहिती मेळटली.

**जमनीच्यो सनदी**

19 december 2025 वन हक्क कायद्याप्रमाण जमनीच्यो सनदी दीवपाची प्रक्रीया पुराय जातली अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दील्या.गोयात आता मेरेन सुमार 10500 अशे अर्ज प्रलंबीत आसात,हातुल्ले सुमार दोन हजार अर्ज निकालात किडल्यात ,जाल्यार उरील्ले सुमार 8 हजार अर्ज 19 डीसेंबर मेरेन निकालात काडटले अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा.जमनीच्यो सनदी दीवपाच्या फांटभुयेर काणकोण,केपे,सांगे,धारबांदोडा,फोण्या आनी सत्तरी ह्या आदीवासी समाजाची चड लोकसंख्या आशील्ल्या आनी अशी जमनीची प्रकरणा आशील्ल्या म्हालात 14 जुनाक खासा शिबीर घेंवन सनदी संबंधीची प्रक्रीया सुरू करतले. अर्जदारांनी ह्यावेळार आवश्यक कागदपत्रा हाडुन ह्या शीबीराचो लाव घेवन जमनीचे सनद मेळोवपाक फुडाकार घेवचो अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा.

**सोलर रुफ टॉप - 70**

2027 मेरेन गोंयांत पर्यावरण पुरक उर्जेचो उपेग करपाच्या हेतान सौर उर्जेवरवी 21 हजार 200 सोलर रुफ टॉप बसवपाची मोख राज्य सरकारान दवरल्या. घरगुती उपेगाखातीर सौरउर्जेच्या वापर सच्या कामां खातीर करता. 21,200 सोलर रुफ टॉप लागी लागी 65 मेगा वेट उर्जा निर्मिती करुंक शकता, जाल्यार मद्यम वर्गीय घरब्याक प्रधानमंत्री सुर्य घर , मुफ्त बीजली येवजणेचो चडान चड लाव मेळोवन दिवपाक रिन्यवेबल एनर्जी खात्याच्या अधिकाऱ्यांनी लोकामदी चडान चड जागृताय करची असो आदेश मुखेलमंत्र्यान संबंधित अधिकाऱ्यांक दिला.

Temperature – 20

गोय वेधशाळेनं उक्तायल्ल्या अदमासा प्रमाण आज राज्यांत चडांत चड तापमान 33 डिग्रीस celcius जाल्यार उण्यांत उणे तापमान 26 डिग्रीस celcius आसतले.

Table tennis – 50

संवसारीक टेबल टेनिस-डब्ल्यूटीटी कंटेंडर स्कोप्जे 2025 आज उत्तरी मैसेडोनियातल्या स्कोप्जे हांगा सुरू जाता. ही सर्त ह्या म्हयन्याचे 15 तारखे मेरेन चलतली. भारता खातीर संवसारीक क्रमवारीत ४८ व्या क्रमांकाचेर आशिल्लो मानव ठक्कर आनी मनुष शाह दादल्यांच्या एकोडी गटांत खेळटले जाल्यार संवसारीक क्रमवारीत 46 व्या क्रमांकाचेर आशिल्ले मानिका बत्रा बायलांच्या एकोडी गटांत वांटो घेतले.

**योग दिस□निमत□न - 60**

आंतरराष्ट्रीय योग दिसानिमतान 21 जून क आपल्या संबंदीत कार्यालयांची सुवात वा आपल्या लागीची शाळा, कॉलेज, पंचायत, नगरपालिका वा खंयच्याय हेर संस्थेत आयोजीत योग शिबिरांनी सगळ्यां सरकारी कर्मचाऱ्यांनी वांटो घेवप सक्तीचें आसा, असो आदेश सर्वसादारण प्रशासन खात्यान जारी केला.तशेंच आपल्या खात्याचे कार्यालय/संस्थे भायल्या योग सत्रात सहभागी जावपी कर्मचाऱ्यांनी सहभागी जाल्ल्याचो पुरावो म्हूण आपल्या खात्याचे मुखेली/कार्यालयाक स्वताचो फोटोग्राफ सुपुर्द करपाक जाय.